# Booth Level Officer e-Patrika

(In-Focus: SVEEP Initiatives)




Volume 8

# बीएलओचे अधिकारःस्वीप उपक्रम आनी साधनां चालीक लावप

## वळख

बीएलओ ई-पत्रिकेच्या आठव्या आवृत्तींत, स्वीप उपक्रम चालीक लावपाक आनी तळागळांतल्या पांवड्यार साधनांचो वापर करपाक बीएलओच्या म्हत्वाच्या भुमिकेचेर भर दिला. ती गतिशील विनोदी शैलींत सादर केल्या आनी ही सिरीज दोन बीएलओ मदलो संवाद आसा.

तातूंत वेगवेगळ्या ईसीआय उपक्रम आनी पोस्टर, घोशणा, मतदाता जंक्शन, आनी ईसीआय गीत सारकिल्या खाशेल्या कार्यावळींचो सोद घेतात आनी ह्या सगळ्यांचो उद्देश असो की मतदारांक आपापल्या वाठारांत सक्रियपणान आसपावन घेवप.

फुडें, स्वीप 4 रणनितींत बूथ स्तराची मायक्रो-प्लॅनिंगाचेर भर दिला जाका लागून वैयक्तीक आनी सानुकुलीत आवटरीच, परस्पर संवाद आनी समाजीक एकत्रीकरण यत्नाचेर भर दितले. बूथ पांवड्या वयले कृती आराखडो प्रभावीपणान चालीक लावपा खातीर बीएलओंनी तळागळांतल्या कार्यकर्त्यां वांगडा एक पंगड म्हूण सहकार्य करपाक जाय.

मतदारांक प्रेरणा दिवपाक आनी वेंचणूक प्रक्रियेंत तांचो वांटो वाडोवपा खातीर सध्याच्या स्वीप संसाधनांचो प्रभावीपणान वापर करपाक तांकां सक्षम करता ते खातीर हो खंड बीएलओक मार्गदर्शक म्हूण काम करतलो.









## संपादकीय समिती

एन.एन. बुटोलिया
वरिश्ठ मुखेल सचीव
(मतदार वळेरी)

अशोक कुमार
संचालक (आयटी)

कुलदीप कुमार सहरावत
संचालक (प्रशिक्षण),
आयआयआयडीइएम

एस. सुंदर राजन
संचालक (एव्हीएम)

दिपाली मसिरकर
संचालक (वेंचणूक नियोजन)

संतोष अजमेरा
संचालक (स्वीप)
वांगडी संयोजक

## संपादकीय टीम

आर के सिंग
स्वीप समन्वयक

अनुज चंदाक
जोड संचालक मिडीया
(स्वीप)

राहूल कुमार
विभाग अधिकारी, स्वीप

रजनी उपाध्याय
संचारण सल्लागार

ईशा खान
ग्राफिक डिझायनर

## दोन बीएलओ मदलो संवाद











# बीएलओ प्रशिक्षण











पयलीं, 27 ऑक्टोबर सावन 9 डिसेंबर 2023 मेरेन सुरु जाल्ल्या विशेश संक्षिप्त पुनरिक्षणा खातीर स्वीप साधनांचेर चर्चा करुया. हांगा, ऑनलायन/ऑफलायन नोंदणी प्रक्रिये विशीं नागरिकांक शिक्षण दिवप हें आमचें ध्येय आसा. तातूंत मजत करपा खातीर कांय पोस्टरां आनी घोशणां दिल्यात.


"कदम पहला तो लो तुम चलो वोटर बनो तुम"
"बहाने छोड़ दो तुम चलो वोटर बनो तुम"
"बड़ा छक्का जड़ो तुम चलो वोटर बनो तुम"
"दमक कॉलेज की हो तुम चलो वोटर बनो तुम"
Chief Electoral Officer, Delhi


प्रभावी! हीं पोस्टरां माहितीपूर्ण आनी आकर्शक आसात. तीं लोकांक प्रक्रिया समजून घेवपाक मजत करतली आनी एसएसआर वेळार चडावत वांटो घेवपाक प्रोत्साहन दिवपाक हांव तांचो वापर करूंक शकता.
तशेंच तुमी तुमच्या वाठारांतल्या मुखेल सुवातींनी हीं पोस्टरां प्रदर्शन करूंक शकतात. नोंदणीकरणा खातीर, किदेंय अपडेट करपाक/बदल करपाक वा वगळावपाक लोक स्वभाविकपणान नोंदणी बुथा कडेन आकर्शीत जातले. हातूंत आनीक कांय संबंदीत पोस्टरां आसात.


भारत निर्वाचन आयोग
Election Commission of India
हें तुमचें पयलें मत आसा, 1,
तें म्हत्वाचे आसा
18 वर्सां पुराय जावप ही स्वातंत्र्याची अविश्वसनीय कल्पना आसा. तुमचें पयलें मत माहिती आनी नैतीक पद्दतीन दिवन ह्या स्वातंत्र्याचो अणभव घेवचो.
फकत
voters.eci.gov.in
लॉगऑन करचें आनी मतदार म्हूण नोंदणी करूंक फॉर्म 6 ऑनलायन भरचें.
National Icon of ECI
Sh. Rajkummar Rao
Election Commission of India
https://voters.eci.gov.in/
Follow us
/ecisveep
DOWNLOAD VOTER HELPLINE APP
Google Play
App Store
App Store


भारत निर्वाचन आयोग
Election Commission of India
मतदाना खातीर नोंदणी करपाक,
वर्साक 1 न्हय तर 4 संदी मेळटात!
तुमच्या कॅलेण्डराचेर खूण करुन दवरची
सकयल दिल्ल्या खंयच्या तारखेक तुमी 18 वर्सां पिरायेचे जाता जाल्यार
01
01
01
01
तुमचें अर्ज फॉर्म निवडचें
फॉर्म 6- मतदार नोंदणीकरण
फॉर्म 8- तपशिलांत दुरुस्ती
फॉर्म 7 – नांव वगळावप
फॉर्म 6 बी- आधार कार्डा वांगडा मतदार वळखपत्र लिंक करचे.
तुमचें हॅल्पलायन एप डावनलोड करचें वा www.nsvp.in चेर लॉगऑन करचें.
तुमचें एपीक कार्ड आधार कार्डा वांगडा लिंक करपाक फॉर्म 6 बी भरचें.
www.nvsp.in
www.eci.gov.in
1950
Voter Helpline App


मतदार वळेरीचे विशेश संक्षिप्त पुनरिक्षण
2024 आतां लायव्ह आसा!
(27 ऑक्टोबर 2023 ते 9 डिसेंबर 2023)
मतदार हॅल्पलायन मॉबायल एप
डावनलोड करचें आनी ह्या वरवीं अर्ज करचो
मतदार सुविधा कैंद्रा वरवीं अर्ज करप वा तुमच्या बीएलओक संपर्क करचो.
www.voterportal.eci.gov.in हाचेर लॉगऑन करचें
1950
मतदार हॅल्पलायन
मतदार म्हूण नोंदणी करची वा तुमचो तपशील अद्यावत करचो.



खास करुन येता ते सार्वत्रीक वेंचणुके वेळार ईव्हीएम -व्हीव्हीपॅट विशीं जागृताय करप गरजेचें आसा. जायते फावट गैरसमज आनी बनावट खबरो येतात.
हें खूब आकर्शक आसा. आतां, आमी लोकांक ईव्हीएम - व्हीव्हीपॅट आनी मतदान प्रक्रिये विशीं माहिती आवडट्या अशा रितीन कशी दिवंक शकतले?
योग्य स्वीप पोस्टरां वरवीं आमी नागरिकांक ईव्हीएम - व्हीव्हीपॅटाची सुरक्षा आनी सत्यापनां विशीं शिक्षण दिवंक शकता. ते खातीर लोकांक बनावट खबरां पासून खरी माहिती समजून घेवंक मजत जातली. हातूंत ईव्हीएम आनी व्हीव्हीपॅट संबंदीत एक पोस्टर आसा.




हीं स्वीप पोस्टरां शेअर केल्ले खातीर उपकार मागता. ते खऱ्यानीच नागरिकांक ईव्हीएम - व्हीव्हीपॅटाची पारदर्शकताय, सुरक्षा आनी सोंपेपणान समजून घेवपाक मजत करतले जाका लागून मनशाच्यो चुको उण्यो जातल्यो.
हय, ईव्हीएम पद्दतीन अवैध मतां नात हाचें नागरिकांक शिक्षण दिवप म्हत्वाचें आसा. व्हीव्हीपॅट तुमच्या मताची पुष्टी दिता आनी निकालाची पडताळणी करपाक परवानगी दिता.




व्हीव्हीपॅट
वोटर व्हेरिफायेबल पेपर ऑडीट ट्रेल
येता ते भौशीक वेंचणुकेंत सगल्या मतदान केंद्रांनी व्हीव्हीपॅटाचो वापर जातलो
व्हीव्हीपॅट बॅलेट युनिटा सयत मतदान कक्षांत दवरतले
व्हीव्हीपॅटा कडेन एक पारदर्शक विंडो आसता जी मतदान करतना छापील कागदाची स्लिप दाखयता.
छापून आयिल्ल्या पेपर स्लिपांत उमेदवाराचें नांव, अनुक्रमांक आनी वेंचणूक चिन्न मतदाराक सुमार सात (7) सेकंद दाखयतले.
सुमार सात (7) सेकंदां उपरांत छापिल्ल्या कागदाची स्लिप आपोआप यूटी आनी सकयल सील बंद बॉक्सांत पडटली.
VVPAT
NAME
VVPAT
MMM
SERIAL NUMBER
SYMBOL
VERIFY YOUR VOTE
bharat ka bharosa
व्हीव्हीपॅट वेंचणूक प्रक्रियेंत पारदर्शकताय आनी विश्वासार्हता आनीक वाडयता
भारत वेंचणूक आयोग
यूआरएलः https://eci.nic.in







# मतदार सुविधा सेवा

दिव्यांग आनी 80+ पिरायेच्या मतदारां खातीर घरां कडल्यान मतदान करप



मतदार सहाय्य बूथ हो दरेक मतदान केंद्राच्या ठिकाणाचेर हॅल्पडेस्क सेटअप आसा.




## मतदान केंद्राचेर स्वयंसेवक











## cVIGIL एप

आदर्श आचारसंहितेची अंमलबजावणी करपा विशीं ईसीआय आज्ञापत्रांत सामील जायात.




1. सोरो वांटप
2. भेटवस्तु वांटप
3. पयशे वांटप
4. पोस्टर वितरण करप

100 मिनटांनी स्थिती

हांगा मेळटा
गुगल प्ले | एप स्टोर

## मतदार हॅल्पलायन एप

तुमचें नांव सोदचें, ऑनलायन फॉर्म भरचें

- तुमचें नांव सोदचें
- तुमचो बूथ स्तरीय अधिकारी सोदात
- फॉर्म डावनलोड करात
- तुमच्या फॉर्माची स्थिती तपासची
- ऑनलायन फॉर्म दाखल करचें
- मतदाना विशीं जाणून घेयात
- ईव्हीएम विशीं वाचात

हांगा मेळटा
गुगल प्ले | एप स्टोर




## तुमचें उमेदवार एप जाणून घेवचे



तातूंत 'गुन्यांवकारी पूर्वस्थिती' सयत वेंचणूक लडोवपी उमेदवारां विशीं तपशील दिला. नागरिकांक आपलें मोलादीक मत दितना माहिती आशिल्ल्याची निवड करपाक सशक्त करता.

हांगा मेळटा
गुगल प्ले | एप स्टोर




## Saksham एप

बूथ स्तरीय अधिकार्या कडल्यान डोर स्टेप सुविधा मेळोवची

- स्वताक दिव्यांग म्हूण चिन्नांकीत करचें
- नवें दिव्यांग मतदारा खातीर अर्ज करचो
- तुमचो बूथ स्तरीय अधिकारी सोदचो
- व्हिलचॅरा खातीर अर्ज करचो

हांगा मेळटा
गुगल प्ले | एप स्टोर

# वास्तवीक काणी

## श्री. एम. सम्मैय्या, बूथ स्तरिय अधिकारी (ग्राम स्तरिय अधिकारी) हे तेलंगणाच्या हुस्नाबाद मतदारसंघ (सिद्धीपेट जिल्लो) अक्कनपेटा मंडळाच्या गुडटीपल्ली गांवांत आशिल्ल्या आदल्या मतदान केंद्र - 49 कडेन संबंदीत आशिल्ल्या विस्थापीत मतदारांच्या रि-मॅपिंग कडेन जोडिल्लो आसा.

(ए) आव्हान- हुस्नाबाद विधानसभा मतदारसंघांतल्या गौरावेली प्रकल्पाक लागून दोन बूथ स्तरिय अधिकाऱ्या खातीर (बीएलओ) म्हत्वाचें आव्हान आशिल्लें. दोन मतदान केंद्रांचें विलीनीकरण आनी विशेश संक्षिप्त पुनरिक्षणा मदीं मतदारांची अचूक माहिती दवरपाचें काम तांकां दिल्लें, जंय वेळेची मर्यादा आनी संभाव्य प्रॉक्सी नामो आडमेळीं निर्माण करताले.

बी) उपाय- श्री एम. सम्मैय्या हांणी फुडली रणनिती आपणायली:

1. विलीनीकरणाक लागून मतदान केंद्रां कडेन संबंदीत आशिल्ले वळखून घेतिल्ल्या मतदारांक वगळायतले.
2. स्थलांतरीत कुटुंबांच्या नव्या नाम्याची स्वतंत्रपणान तपासणी केली, वेगवेगळ्या स्त्रोतां कडल्यान माहिती एकठांय केली, मुखेलपणान गांवच्या मुखेल्यां कडल्यान आनी तथ्यात्मक डेटा खातीर थेट तांचे कडेन संपर्क सादलो.
3. विस्थापीत मतदारांक लागींच्या मतदान केंद्राचेर परतून प्रस्थापीत करप, बीएलओ ॲप्स आनी ईआरओ नेट वरवीं फॉर्म 8 अर्जां सयत मतदार वळेरी अद्ययावत करप.






सी) परिणाम - बीएलओच्या यत्नांक लागून मतदारसंघांतल्या स वेगवेगळ्या मतदान केंद्रांच्या मतदार वळेरींत 1,072 स्थलांतरीत मतदारांची येसस्वीपणान नोंदणी जाली.

डी) प्रतिसाद- 21-08-2023 दिसा मसुदो वळेरी उजवाडाक आयिल्ल्यान ह्या अभ्यासाचो सकारात्मक परिणाम जालो. स्थलांतरीत मतदार आपल्या लागींच्या मतदान केंद्रांच्या मतदार वळेरींत आपलें नांव पळोवन खोशी जाले. थळावे प्रेस आनी सीईओ कार्यालय ह्या दोगांयनी ह्या संबंदांत श्री एम. सम्मैय्या हांच्या समर्पीत कार्याची दखल घेतली.







(भारतरत्न श्री सचिन रमेश तेंडुलकर माननीय आयोगा कडेन एमओयू अदलाबदल करतना)



(बॉलिवूडाचो नामनेचो अभिनेतो श्री राजकुमार राव माननीय आयोगा कडेन एमओयू अदलाबदल करतना)

# राष्ट्रीय आयकॉनची भुमिका

श्री सचिन रमेश तेंडुलकर आनी श्री राजकुमार राव हांकां मतदार जागृताय, शिक्षण, आनी तांच्या वैयक्तीक क्षमतेन सहभाग वाडोवन सक्रीयपणान वांटो घेवपा खातीर आयोगान ईसीआय राष्ट्रीय आयकॉन म्हणून नेमणूक केल्या. नागरिकां, खास करुन तरणाटे आनी शारी लोकसंख्या आनी वेंचणूक प्रक्रिया हांचे मदलें अंतर पयस करप हो ह्या भागीदारीचो हेतू आसा. शारी आनी तरणाट्या लोकसंख्ये मदली उदासीनताय पयस करपाक आनी भारताची लोकशाय बुन्याद घटमूट करपा खातीर एक प्रभावी सहकार्य म्हूण ताची परिकल्पना केल्या.









भारतीय वेंचणूक आयोगान नामनेचो अभिनेतो राजकुमार राव हांकां आपलो राष्ट्रीय आयकॉन म्हूण मान्यताय दिल्या.